**घुंवळी वखदांच्या वेव्हाराचेर नियंत्रण दवरपाचे काम करपी  बिगर सरकारी संघटनांकडल्यान प्रस्ताव मागयल्या**

ता. 07 मे 2020

केंद्र सरकाराच्या वित्त मंत्रालयान गृह वेव्हार मंत्रालय आनी महसूल विभागामार्फत गोंय राज्यात घुंवळी वखदांचो वेव्हार आनी वेसनाचेर नियंत्रण दवरपाचे काम करपी बिगर सरकारी संघटनांक अर्थिक पालव दिवपा खातीर प्रस्ताव मागयल्या.  घुंवळी वखदांच्या वेव्हाराचेर नियंत्रण दवरपाचे काम करपी बिगर सरकारी संघटनांची कार्यक्षमता वाडोवप हो हया येवजणेचो उद्देश आसा.

निवड जाल्ल्या बिगर सरकारी संघटनांक वा राज्य संचालीत स्वायत्त संस्थांक घुंवळी वखदां, अमली पदार्थ वा नियंत्रीत पदार्थांच्या वेव्हाराचेर आनी सेवनाचेर नियंत्रण दवरप आनी आळाबंद घालप,घुंवळी वखदांचे सेवन करप्यांचो सोद घेवप, उपचार करप, तांचे पुनर्वसन करप, घुंवळी वखदां सेवनाक आळाबंद घालप, घुंवळी वखदांच्या सेवनाआड लोकांक सुशिक्षीत करप, वैजकीय उपचारांच्या गरजे प्रमाण वेसनाधीन मनशाक वखदांची पुरवण करप अशा मळार काम करचे पडटले.

इत्सुक बिगर सरकारी संघटनांनी वा राज्य संचालीत स्वायत्त संस्थांनी चड म्हायती खातीर आपलो प्रकल्प अहवाल आनी आवश्यक दाखल्यां सयत जिल्हा कल्याण अधिकारी (उत्तर) समाज कल्याण संचालनालय, 18 जून मार्ग, पणजी गोंय, फोन न. 9764290015  चेर संपर्क करचो वा राष्ट्रीय घुंवळी वखदां वेव्हार आनी वेसन नियंत्रण निधीच्या संकेतथळार भेट दिवची.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/236

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA